**एक राष्ट्र एक रेशन कार्ड येवजणे खाला खंयच्यानय राशन  घेवपाची सुविधा**

ता. 9 सप्टेंबर 2022

केंद्रीय गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयाच्या अन्न आनी भौशीक वितरण विभागान रेशन कार्डांच्या देशव्यापी पोर्टेबिलिटीखातीर राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्या (NFSA) खाला एक राष्ट्र एक रेशन कार्ड (ONORC) येवजण सुरू केल्या. हे येवजणेप्रमाण राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्या खाला आस्पावीत सगळ्यां पात्र रेशन कार्डधारक/लाभार्थीक देशात खंयच्यानय रेशन धान्याचो लाव घेवपाक  मेळटा. त्याप्रमाण गोंय सरकारानय 2020 वर्सा गोंय राज्यांत एक राष्ट्र एक रेशन कार्ड येवजण लागू केल्या.

ह्या नव्या पद्दती प्रमाण पात्र रेशन कार्डधारक आऩी खास करून स्थलांतरीत लाभार्थी देशातल्या खंयच्याय रेशन धान्य दुकानातल्यान सध्याच्या रेशनकार्डा वरवीं बायोमेट्रिक/आधार प्रमाणीकरणासयत पुराय वा अर्ध्या धान्याचो कोटो घेवपाक  शकतात. तशेंच हे पद्दती प्रमाण लाभार्थी घरा परत येता तेन्ना ताच्या  रेशनाचेर उरिल्ले धान्य घेवपाक शकता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/513

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji